राष्ट्रीय खबरो

13.10.2026

@ 8.40 AM

मुखेल खबरो

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी 6 राज्यांमदी राज्यपालांची नियुक्ती केल्या.

आयज नवी दिल्लींत बिमस्टेक देशांच्या गृहमंत्र्यांची पयली बसका जातली.

भारत आता आपल्या संरक्षणाकडे संबंधित गरजांपैकी व्हड वांटो  देशांतर्गतच पूराय करता अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हळा.

महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांतल्या ऊंस शेतकारांच्या समस्यांचेर उपाय काडपा खातीर एका सप्तका भितर उच्च पांवड्यावेली समिती स्थापन करपाची घोशणा केंद्र सरकारान केल्या.

आता पुराय खबरो

मुर्मू

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी 6 राज्यांमदी राज्यपालांची नियुक्ती केल्या. सिक्कीमचे राज्यपाल ओम प्रकाश माथूर आता केरळमचे नवीन राज्यपाल आसतले. केरळमचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकर हांची आता तामिळनाडूचे राज्यपाल म्हणून नियुक्ती केल्या. ब्रज मोहन राम हांची ओडिशाचे राज्यपाल म्हणून नियुक्ती जाल्या तर डॉ. सुधा यादव कर्नाटक ची राज्यपाल आसतली. डॉ. ढाल सिंग बिसेन हांची उत्तराखंडचे राज्यपाल म्हणून नियुक्ती

जाल्या आनी दुष्यंत गौतम सिक्कीमचे राज्यपाल आसतले. तांच्यो नियुक्ती ताणी आपापल्या पदाचा कार्यभार स्वीकारपाच्या तारखेपासून लागू जातल्यो.

बिमस्टेक

आयज नवी दिल्लींत बिमस्टेक म्हळ्यार बे ऑफ बंगाल इनिशिएटिव्ह फॉर मल्टी-सेक्टरल टेक्निकल अँड इकोनॉमिक कोऑपरेशन देशांच्या गृहमंत्र्यांची पयली बसका जातली. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह उच्च पांवड्यावेले बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटले. सोशल मिडिया पोस्टांत शाहा हाणी  सांगलें की ही इतिहासीक बसका आतंकवाद, आंतरराष्ट्रीय संघटित गुन्यांवगिरी, घुवळी पदार्थ, कट्टरतावाद, मानवी आनी हेर तस्करी, बेकायदेशीर अर्थीक व्यवहार आनी सायबर धोके आडावपाच्या सामायिक संकल्पाक अधोरेखित करता. प्रभावी समन्वयांतल्यान आमी सुरक्षीत आनी घटमूट बिमस्टेक प्रदेश उबारपाक कटिबद्ध आसात अशें तांणी सांगलें. (BIMSTEC) ही दक्षिण आशिया आनी आग्नेय आशियाई देशांची आंतरराश्ट्रीय संस्था. हातुत भारत, बांगलादेश, भूतान, म्यानमार, नेपाळ, श्रीलंका आनी थायलंड हे बिम्स्टेकाचे वांगडी देश आसात.

Rajnath singh

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी सांगला की, फाटल्या काय वर्षांत सरकारान शस्त्रा आणि तंत्रज्ञानापासून ते गणवेश, उपकरणां आणि प्रशिक्षणा मेरेनच्या सगळ्याच क्षेत्रांत आत्मनिर्भरता आणि आधुनिकीकरण साध्य करपाचेर भर दिला. नवी दिल्लीत काल भारतीय लष्कर आणि 'फूड कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया' मदी समजीकायेची कबलात जाली. हे वेळार उलयताना  सिंह हाणी म्हळे की, भारत आता आपल्या संरक्षणाकडे संबंधित गरजांपैकी व्हड वांटो  देशांतर्गतच पूराय करता. त्यांनी नमूद केले की, जेन्ना सरकार

सैनिकांक सकस आहार, योग्य उपकरणां, दर्जेदार प्रशिक्षण आणि फाव ती सुविधा दिता तेन्ना त्यांचे मनोधैर्य वाडपाक मदत जाता.

SEVA SANKALP

प्रधान मंत्री  नरेंद्र मोदीनी जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवेचो मंत्र आणि अविरत कटिबद्धता सांबाळत भौशिक सेवेची २५ वर्सा पूराय केल्यात. 'सेवा' आणि 'सुशासन' या दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मेरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अविरत प्रयत्नशील आसा. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत 'प्रधानमंत्री उज्ज्वला योजने'च्या माध्यमातल्यान ही दूरदृष्टी कशा तरेन कृतीत हाडली हाचे एक उदाहरण आम्ही तुमच्या मुखार मांडता.२०१६ त सुरू केल्या या योजनेचो उद्देश रांदपा खातीर स्वच्छ इंधन उपलब्ध करून दिवप हो आशिल्लो जेणेकरून खासाकारून गरीब कुटुंबांतल्या बायलांक सन्मान, भलायकी आणि समान संधी प्राप्त जातली. एलपीजी कडे फक्त मध्यमवर्गीयांची सोय म्हणून पळोवपा वाटयाचे, या योजनेअंतर्गत गॅस कनेक्शन बायलांच्या नावान दिली हाका लागुन लाखांनी कुटुंबांक सरपण, शेणाच्या गोवऱ्यो आणि हेर प्रदूषणकारी इंधनांच्या वापरातल्यान मुक्त जावपाक मदत झाली, तसेच घरातल्या निर्णयप्रक्रियेत बायलांचो सहभाग वाडोवपाक वाव मेळलो. मे २०२६ मेरेन गरीब कुटुंबांतल्या बायलांक १० कोटीं परस अधिक मोफत एलपीजी कनेक्शन्स दिल्या

<u>ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रावेल्यान आयकतात</u>

आकाशवाणी पणजी आता मुखावेल्यो खबरो

Suryakant

जेन्ना घटनात्मक अधिकारांचे उल्लंघन जाता तेन्ना न्यायालयांनी तातुंत हस्तक्षेप करपाक जाय अशे नवी दिल्लीत राष्ट्रीय मानवाधिकार आयोगाच्या ३३ व्या स्थापना दिसानिमित्त उलयताना भारताचे न्यायमूर्ती सूर्यकांत हाणी म्हणला. न्यायमूर्ती सूर्यकांत हाणी म्हणले की, संविधानान प्रत्येक नागरिकाक प्रतिष्ठा, समानता, स्वातंत्र्य आणि न्याय यांसारखी व्यापक आश्वासनां दिल्यात. मानवाधिकार आयोगांनी कागाळीची चौकशी करपाक जाय, प्रणालीतले उणाव सोदुक जाय आणि ज्या समस्यांकडे हरशी दुर्लक्ष जावुक शकता वा ज्यो नजरेआड रावुंक शकतात, त्या समस्यांकडे संस्थात्मक पातळीर लक्ष दितले हाची खात्री करपाक जाय. सर्वोच्च न्यायालयाची दारां सगळ्यां खातीर उक्ती आसात आणि खंयच्याय सामान्य नागरिकाची वा लोकप्रतिनिधी संस्थेच्या सदस्याची याचिका स्वीकारतात अशे ताणी सांगले.

शिवराज

महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांतल्या ऊंस शेतकारांच्या समस्यांचेर उपाय काडपा खातीर एका सप्तका भितर उच्च पांवड्यावेली समिती स्थापन करपाची घोशणा केंद्र सरकारान केल्या. केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आनी केंद्रीय गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्री प्रल्हद जोशी हांणी नवी दिल्लींत महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांतल्या ऊंस शेतकारांच्या शिश्टमंडळां कडेन चर्चा केल्या उपरांत हो निर्णय घेतला. हे बसकेंत ऊंस शेतकारां संबंदीत वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर चर्चा जाली; शेतकारांक बेगोबेग थाकाय दिवपाच्या हेतान केंद्रीय मंत्री चौहान आनी प्रल्हद जोशी हांणी एका सप्तका भितर खाशेली उच्च पांवड्यावेली संयुक्त समिती स्थापन करपाची म्हत्वाची घोशणा केली. हे

समितींत केंद्र सरकार, कर्नाटक आनी महाराष्ट्र राज्य सरकार, शेतकार संघटना आनी साकर कारखान्यांचे प्रतिनिधी तशेंच संबंदीत मळार तज्ञ शास्त्रज्ञ आसतले.

चौहान

कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी सांगले की, कृषी विकासा खातीर जिल्ल्लो-स्तरा वेले नियोजन आणि वेगवेगळ्या मंत्रालयांमधलो समन्वय अत्यंत महत्त्वाचो आसा. 'पंतप्रधान धन-धान्य कृषी योजने'बाबत म्हळयार (PMDDKY) आयोजित राष्ट्रीय परिषदेत उलयताना त्यांनी हे प्रतिपादन केले. थळाव्या परिस्थिती प्रमाण नियोजनाच्या महत्त्वाचेर भर दित, चौहान यांनी सांगले की, या योजनेची रूपरेषा जिल्हाधिकाऱ्यांनी प्रत्यक्ष जमिनीवेल्या परिस्थिती .चो आढावो घेऊन तयार केल्या. 'पंतप्रधान धन-धान्य कृषी योजना' अशा १०० जिल्ह्यांक प्राधान्य दिता जे कृषी उत्पादकतेमदी फाटी आसात, थंय पिकांची सघनता कमी आसा वा जय संस्थात्मक कर्जपुरवण कमी आसा. ताणी अधिकाऱ्यांक निर्देश दिले की, भाताची कापणी जाल्या .उपरांत पडीक उरपी जमिनींर 'मिशन मोड' अंतर्गत कडधान्य आणि तेलबियांच्या लागवडीक प्रोत्साहन दिवचे. तसेच, त्यांनी 'किसान क्रेडिट कार्ड' योजनेचा विस्तार करपाचेर आणि विशेषतः पूर्व भारत आनी अविकसित जिल्ह्यांमदी संस्थात्मक कर्जपुरवण जलद गतीन करपाचेर भर दिला.

IFFI 2026

'५७ व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवा'चे (IFFI 2026) वार्तांकन करपाक इत्सुक माध्यम प्रतिनिधी आता 'मीडिया ॲक्रेडिटेशन' खातीर  अर्ज करू शकतात. याखातीर ऑनलाइन पोर्टल सुरू जाला आनी, अर्ज सादर करपाची निमणी तारीख १५ ऑक्टोबर आसा.हो महोत्सव २० ते २८ नोव्हेंबर या कालावधीत गोयात पणजीत आयोजित करतले,हातुंत भारत आणि जगभरातले चित्रपट निर्माते आनी चित्रपट क्षेत्रातले व्यावसायिक एकठाय

येतले. पात्र माध्यम प्रतिनिधींनी 'प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरो'च्या (PIB) अधिकृत ॲक्रेडिटेशन पोर्टल मुदतीआदीची ही प्रक्रिया पूराय करची, अशे आवाहन केला.

वखदां

कॅन्सरावेल्या वखदांच्या 'ट्रेड मार्जिन' म्हळ्यार (व्यापारी नफ्याच्या मर्यादेचेर) नियंत्रण हाडपाक केंद्र सरकारान ती कमाल किरकोळ किंमतीच्या ३० टक्क्यां मेरेन मर्यादित करपाचो निर्णय घेतला अशी माहिती सर्वोच्च न्यायालयाक दिल्या.

बॅडमिंटन

बॅडमिंटनांत आयज सुरू जावपी 'डेनमार्क ओपन 2026' सर्तीत पी.व्ही.सिंधु बायलांच्या एकोड्या गटात आनी सात्विक साईराज रांकिरेड्डी आनी चिराग शेट्टी हे दादल्यांच्या दोटटी जोडीचें फुडारपण करतले. बायलांच्या एकोडी सर्तीत सिंधूक सुरवातीच्या फेरयेंत ऑलिंपिक चॅम्पियन आनी संवसारीक क्रमांक 1 कोरियाच्या 'आन से-यंग हांचे कडल्यान आव्हान आसतले.

वेदर

भारतीय हवामान खात्यान आज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ आनी पंजाबाच्या कांय वाठारांनी वादळी वारें आनी वीजे वांगडा पावस पडपाचो अदमास काडला. आज आंध्र प्रदेश, जम्मू-काश्मीर-लद्दाख, गिलगित, बाल्टिस्तान, मुझफ्फराबाद आनी राजस्थानांतय अशीच हवामानाची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. तशेंच ईशान्य भारत, हिमाचल प्रदेश, केरळम, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा कांय वाठारांनी गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान दिला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाणआज कोंकण आनी गोंयांतल्या कांय सुवातींनी उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.

आनी आता परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी 6 राज्यांमदी राज्यपालांची नियुक्ती केल्या.

आयज नवी दिल्लींत बिमस्टेक देशांच्या गृहमंत्र्यांची पयली बसका जातली.

महाराष्ट्र आनी कर्नाटकांतल्या ऊंस शेतकारांच्या समस्यांचेर उपाय काडपा खातीर एका सप्तका भितर उच्च पांवड्यावेली समिती स्थापन करपाची घोशणा केंद्र सरकारान केल्या.

आनी इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो आमच्यो मुखावेल्यो राष्ट्रीय खबरो आयकात आयज सांजेच्या 6 वरा 30 मिनटाचेर ……… नमस्कार